# गुदिन्हो हांचे हस्तुकीं रस्तो सुरक्षा सप्तकाची सुरूवात

ता. 25 ऑक्टोबर 2021

येरादारी मंत्री श्री मॉविन गुदिन्हो हांणी आयज पणजे कदंब येरादारी म्हामंडळाच्या बसस्थानकार रस्त्यावयल्या सुरक्षेविशीं जागरूकताय करपा खातीर खास डिजाईन केल्ल्या वाहनाक बावटो दाखोवन 10 व्या राज्य रस्तो सुरक्षा सप्तकाची सुरूवात केली. "विचार करात आनी वाहन चलयात, जिवीत रावात" अशी ह्या वर्साच्या रस्तो सुरक्षा सप्तकाची संकल्पना आसा.

येरादारी सचीव डॉ तारिक थॉमस, संचालक श्री. राजेंद्र सातार्डेकर आनी गोवा कॅनचे संयोजक श्री रोलांड मार्टिन्स ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

ह्या वेळार उलयताना श्री मॉविन गुदिन्हो हांणी अपघातांपासून गोंय सुरक्षीत दवरपाखातीर वाहन चालकांनी रस्त्याचेर वाहन चलयताना रस्त्यांवयल्या नेमांक आनी सुरक्षीत ड्रायव्हिंग तंत्राक पाळो दिवपाचो उलो मारलो.

लोकांच्या सोयिखातीर येरादारी खात्यान चडशो सेवा ऑनलाईन उपलब्ध केल्ल्याचेय तांणी सांगलें.

ह्या वेळार श्री शांताई पंगडान रस्तो नाट्य सादर केले.

सुरवातीक श्री राजेंद्र सातार्डेकर मानेस्तांक येवकार दिलो आनी निमाणे श्री देसाय हांणी उपकार मानले. श्री सचीन सुर्लकर हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/880

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji